NEHRU BAL PUSTAKALAYA



मदर तेरेजा

लीला मुजुमदार
बच्ची करकरिया

ISBN 81-237-1165-4
पयली आवृत्ती 1995 (शक 1916)
© नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया, 1988
रु. 7.50
Mother Teresa (*Konkani*)
प्रकाशक : संचालक, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया
ए-5, ग्रीन पार्क, नवी दिल्ली-110016

नेहरू बाल पुस्तकालय

मदर तेरेजा

लीला मुजुमदार
बच्ची करकरिया
भाशांतर
फेलीस्यु कार्दोज

19/3/1987

नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया

नोबेल पुरस्कार जोडपी मदर तेरेजा

समेस्तांची आवय

दर एकल्याक एक आवय आसता. आमी भुकेन आसतात तेन्ना ती आमच्या तोंडांत अन्न - उदक घालता. आमी वायटांत पडटात तेन्ना ती आमची सांभाळ करता. आमी दुखी - खंती जातात तेन्ना ती आमकां भुजवण दिता. हें सगलें करपी अशी एक व्यक्ती आसा, पूण ती दुसरे कोणूय आवयचे परस आगळी आनी वेगळी. ती सगळ्यांची आवय. तिचें नांव मदर तेरेजा.

कलकत्त्यांतले मरणाच्या हांतुणावयले, वियेटनामांतले जखमी, इतिओपियांतले भुकेन वळवळटले, अमेरिकेंतले एकोडे, आयर्लंडांतले अनाथ, ऑस्ट्रेलियांतले अपंग अशे सगले निळे देगेची भरभरीत साडी न्हेसपी ते अस्कत अस्तरेकडेन दोळे लायतात. तिचे नाजूक हात कश्टवतल्या संवसाराक वेंगयतात.

आनी दोंगर हालोवंक शकतले हे अस्तरेक संवसार पळेता, तोखेता आनी अजापता. ही बायल दुडू खंयच्यान येतलो काय म्हूण हुस्को करून वेळ होगडायता. परमेश्वर आपल्या आधाराक पावतलो म्हूण ती मानता.

तिका साबार पुरस्कार मेळ्ळ्यात तांतूंत १९७९ नोबेल शांती पुरस्काराूय आटापता. तिका दुडू मेळ्ळे म्हणटकूच आपल्याक आनीक एक केंद्र उगतें करपाची वो गरजेवंतांपासत एक आसरो उबारपाची एक संद मेळ्ळी म्हूण ती समजता. तिका मान्यताय दिवप म्हणचे तिच्या वावराची तुस्त करप अशें न्हय, पूण गरीब - दुबळ्यांच्या, पिडेस्तांच्या आनी लाचारांच्या गरजांक मान्यताय दिवप.

ही तिची कथा. ही मदर तेरेजाची कथा. काम कितलेंय कांठाळ्याचें जांव, वावर कितलोय अवगड आसूं, 'तें म्हाका कित्याक पडलां' म्हणून तें करपाक फाटीं सरना तसले माद्रींची ही काणी.

कलकत्त्यांत मदर तेरेजा आनीं पापसायब दुसरो जुआंव पावल

आग्नेस नांवाची एक चली

कलकत्त्यांत मदर तेरेजा आपलें कार्य सुरू करपाची आसली. ''मिशनरीज ऑफ चॅरिटी'' ही आपली संस्था ती स्थापूंक सोदताली. पूण कलकत्त्याचे घाणी - घुट्टाणीचे झोंपडपट्टे थावन हजारांनी मैल पयस आशिल्ल्या, हुगळी नदी थावन खूब दूर उरतल्या येवरोपाच्या एड्रियाटिक दर्याच्या पांचव्याचार देगांचेर आमची काणी सुरू जाता.

१९१० वर्सा आगस्ताचे २७ वेर हे कथेची सुरवात जाता. युगोस्लाविया देसांतल्या स्कोपये नगरांत एका अल्बेनियन जोडप्याक एक मानकुळी बाय जल्मली. तांणी तिक आगनेस हें नांव दिलें. आगनेस गोन्शा बोजाहिव त्या देसांतल्या मध्यमवर्गी भुरग्यांपरीं वाडली. आपल्या भावा आनी भयणी बराबर ती खेळटाली. घरांत ती आवयची फाट सोडिनासली. तिच्या बापायचो एक पसरो आसलो. तो आपले हे धुवेचो चड अपुरबाय करतालो.

आगनेसबाय फकत चार वर्सांची आसली तेन्ना पयलें संवसार झूज सुरू जालें आनी तिचें शांत जिवीत गडबडूंक लागलें. मागीर, तीन वर्सां उपरांत तिचो बापूय सोंपलो आनी बाबडे आवयक आपल्या ल्हान - सान भुरग्यांक वयर काडूंक रगताचो घाम करचो पडलो. झुजाक लागून देसाची दुर्दशा जाल्ली. दुकळ, म्हारगाय आनी हेर अडचणींक आगनेसाची आवय धिरान फुडो करताली. आपलो ल्हान घराबो एकठांय दरवपाक आनी तो सांभाळपाक ती मेळत तीं कामां करताली.

मदर तेरेजा आपल्या भुरगेपणाविशीं भोव थोडे पावटी उलयता. पूण ती दोन घडण्यांचो उल्लेख करता. त्यो आयकून तिका आवयन कितले जतनायेन वाडयली तें दिसून येता. एका दिसा तिनसांजच्या वेळार, आगनेस आनी तिच्यो इश्टिणी घरांत बसून तांचे वळखिच्या एका मनशाविशीं चाडयो करून उलयतालो. अकस्मात दिवे पालवले आनी काळोख जालो. उपरांत, ते दिवे आपणें मुद्‌दम पालयल्यात कित्याक गैरहाजीर आशिल्ल्या मनशाचो मान तिस्त्यो करून उबवपाक उजवाडाची गरज ना म्हूण आवयन तिका सांगलें.

दुसरी घडणी ही : आगनेसाच्यो कांय सांगाती विद्यार्थिनी, तांच्या सभावाक लागून, आवयक मांदनासल्यो. हे विशीं कसलेंच उलवणें करिनासतना तिणें सफरचंदांचो एक पाटलो हाडपाक आपले धुवेक सांगलें. बऱ्या सफरचंदांत एक कुसकें दवरलें. थोड्या दिसांनी त्या पांटल्यार नदर मार म्हूण आवयन धुवेक सांगलें. त्या पांटल्याक पळेवन आगनेसाक दचकोसो बसलो. त्या कुसक्या सफरचंदाक लागून हेरूय सफरचंदा पाड जाल्लीं. हे वरवीं ते तरणाटे चलयेक बरी शिकवण मेळ्ळी, जी ती केन्नाच विसरूंक ना.

आपल्या जिविताच्या सेवाकार्याविशीं तिणें तसो थाराव केन्ना घेतलो काय म्हूण तिका विचारल्यार ती एक खास वेळ वो प्रसंग दाखवन दिना. आगनेस सादेपणीं जियेवनय आपल्या जिवितांत वेगळेंच कितें निर्मिल्लें आसा म्हूण तिका जायते आदीं समजल्लें. ती एका भक्तिवंत रोमी कॅथलिक घराब्यांत जल्माक आयिल्ली. तिच्या धर्मशील मनाचेर घरांतल्या संस्कारांचो प्रभाव पडलोच. भुरगेपणांत तिका झुजाच्या भिरांकूळ घडामोडींचो आनी कश्ट - दग्दांचो कोडू अणभोग मेळिल्लो. हाका लागून ती संवसारी वस्तू पयस सरूंक पावली. बंगालांत कार्य करतल्या जेज्वीट मिस्योनार पाद्रीकडेन आयकल्ल्या खबरांचो तिच्या मनाचेर परिणाम जालो. आपलो फुडार थंय थिरावन आसा म्हूण ते चलयेक, बारा वर्सांचे पिरायेरच उमजल्लें.

युगोस्लावियांत आपलें शिक्षण सोंपयलें तेन्ना आगनेसाक अठरा वर्सां आसलीं. त्यावेळार तिणें संवसाराक फाट करून माद्री जावपाक निचेव केलो. भारतांत, खास करून बंगालांत, आपलो वावर करूंक तिणें थारायले उपरांत ती थंयसर स्थापित जाल्ल्या लॉरेटो माद्रींचे संस्थेंत भितर सरली. आनी फुडली तयारी करूंक आयर्लेंडांत, डबलीन शारांतल्यातांच्या मठांत मठवाशी शिक्षण घेवंक ती गेली. १९२८ वर्सां आपलें घरदार, आपलो देस आनी आपले आवडीचें आनी मोगाचें आसलें तें सगलें सोडून ती एका पयसुल्या देसांत वचूंक भायर सरली. ती भारतांत आयली आनी कलकत्त्यांत एन्टलीच्या सेंट मेरी स्कूलांत शिक्षिका जावन वावरूंक लागली.

आतां आनीक फाटल्यान वळून पळेवपाचें नासलें. आगनेस गोंन्शा बोजाहिव हिणें आपलो वावर करूंक पाल फुडें घातिल्लें. फुडाराक, तिच्या त्या वावराक लागून तिका आंतरराष्ट्रीय मान फावो जावंक पावतलो.

एन्टलीच्या ''लॉरेटो कॉन्वेंटां''त प्राचार्या फुड्यांत मदर तेरेजा

निरोपणें

एन्टलीचो मठ एक सुंदर आनी शांत जागो. चलयांच्या ह्या विद्यालयांत शिकपी भुरगीं चड करून मध्यमवर्गी, कांय जाणां दुसऱ्या परस गरीब. तीं हिंदू, मुस्लिम आनी खिस्ती घराब्यांतलीं. ही माद्र भूगोलाची बेस बरी शिक्षिका म्हूण भुरग्यांची खात्री जाल्ली. ती भुरग्यांची खूब अपुरबाय करताली आनी तींय तिका मोग-मयपास दितालीं. तिच्यो सांगाती माद्रीय दयाळ आनी काम-श्रम करपी आसल्यो. त्यो आपले संस्थेच्या नेमाप्रमाणे धवी लांब न्हेसण न्हेसताल्यो आनी माथ्यार काळी ओडणी घालताल्यो. तांचें जेवण-खाण सादें पूण बरें आसलें. तें जिवीत शांत, शिस्तीचें आनी खुशाल आसलें.

पूण मठाच्या सुंदर आनी पांचव्याचार मळांक तेंकून दळदिराची एक झोंपडपट्टी आसली. तिचें नांव काव्यमय आसलें : **मोतीझील** -म्हणजे तळ्यांतलें मोती. हें 'मोती' म्हणटात तांतुतल्यान वाट काडून गटारांतलें घाणयारें उदक मोडूंक तेंकिल्ल्या त्या खोंपितल्यान व्हांवत वतालें. त्या खोंपींनी अर्ध्या पोटार आशिल्लीं, जायते पावटी पिडेन कश्टवतलीं गरीब - लाचार मनशां - चड करून बेकार दादले आनी बायलो - जिविताचे दीस सारतालीं. भुकेस्त, पिडेस्त, नागडीं - विंगळीं भुरगीं अळशिकेंत हिंडटालीं.

मठाच्या जनेलांतल्यान भायर पळेताना मदर तेरेजाक आपलें सुखाचें जिणें सतावंक लागलें. फकत संवसाराक फाट केल्यारूच पुरो न्हय म्हूण तिका दिसूंक लागलें. हळुहळू, गरिबी,

नेणारपण, पिडा आनी चड करून निराधार ह्या नश्टांआड आपणें झूज करूंक जाय म्हूण तिची खात्री जाली.

ती आपल्या थोड्या शिकपी चलयां बराबर जेवण आनी वखदां घेवन झोंपडपट्टेंत वचूंक लागली. आठवड्याक एक पावटी मोतीझिलांतल्या गरिबांच्या जेवणाचो खर्च त्यो चलयो करताल्यो.

तरीय मदर तेरेजा सतरा वर्सां लेगून लॉरेटोच्या माद्री सांगाताक वावर करीत रावली. ती तांच्या शाळांनी शिकयताली. त्यो शाळा तांच्या शिक्षणीक दर्जाक आनी बरे शिस्तीक लागून लोकीक आसल्यो. पूण ती आपल्या मनांतल्या मनांत दुसरीच तयारी करताली. देवा थांय आपली बरी भक्ती जावपाक आपली व्हड परीक्षा जावंक जाय म्हूण ती जाणा आसली.

शेकीं हो साक्षात्कार तिका १९४६ वर्सां, सेतेंब्राचे १० वेर जालो. शितळ हिमालयांतल्या कर्सेऑंग गांवच्या सेंट मेरी मठांत वचपाचे वाटेर आसतना तिका ''आपवणें'' आयलें. देव आपलेकडेन उलयलो आनी इतलीं वर्सां जे दुभाव तिका सतायताले ते आतां पयस जाले म्हूण तिका दिसलें. आनी थंयच तिका आपल्या फुडाराची वाट स्पश्ट दिश्टी पडली. कितल्योय आडखळी येवूं, पूण आपूण ते वाटेन वतलीच म्हूण तिणें थारायलें.

तें चित्र तुमच्या सामकार हाडात. एक ल्हान आगगाडी दोंगराची वाट नागमोडीन चडटाना सैमाचो जो सोबीत - सुंदर देखावो तिका दिश्टी पडटालो तो तिच्या युगोस्लाविया देसांतल्या देखाव्यांपरस वेगळो नासलो. मुखार बरफान भरिल्ल्या शिखरांचे दोंगर मळबाची निळसाण चिरताले. सकयल दोंगुरल्यो सरू, देवदार, भोज ह्या रूखांक आपल्या गोपांत घेवन आसल्यो. धबधब्यांच्या घोग्यांबराबर नेचरी वनस्पती दोंगरांवयल्यान खाला व्हांवताली; कानफोडीं शेळो मांडिल्ल्या तळपांक धरून आसलीं. अकस्मात, एका खिणांत, आपले खातीर जेजून कसलें जिवीतकार्य निर्मिलां तें मदर तेरेजाक कळ्ळें. कोंवेंतांतलो सुखसंतोस आपणें सोडूंक जाय आनी गरिबांतल्या भोव गरीबांभितर रावन आपणें वावर करूंक जाय म्हूण तिणें थारायलें.

तो मठ सोडून दिवन आपणाक भायर, कलकत्त्याच्या झोपडपट्ट्यांनी काम करपाची इत्सा म्हूण तिणें आपले व्हडील माद्रीक सांगलें. भायर एक वर्स प्रयोग करपाक तिचे संस्थेन आनी उपरांत रोमाच्या धर्माधिकाऱ्यांनी तिका परवानगी दिली.

तिणें लॉरेटो माद्रींचो तो काळो - धवो भेस कुशीक दवरलो आनी निळे देगेची भरभरीत साडी न्हेसून ती मठांतली भायर सरली. हातांत पवित्र पुस्तक घेवन, भुजार एक ल्हान खुरीस लावन,

गांठीक पाच रुपयां परस थोडे दुडू घेवन पूण काळजांत अशीम भावार्थ आनी धीर दवरून ती चलूंक लागली.

हें १९४८ वर्सा घडलें. ह्याच वर्सां तिणें भारती नागरिकपण घेतलें. कलकत्त्यांत येवन ती देवधर्माचें काम करूंक लागल्यार वीस वर्सां जाल्लीं. तेन्ना देव आपणाक कितें करूंक फरमायता तें मदर तेरेजांक सामकें कळ्ळें.

निरासरीतांक जेवणखाण दिताना



सेवेची वाट

आपलो वावर फुडें व्हरपाक आपले भक्ती परस आनीकय कितें पूण जाय म्हूण मदर तेरेजाक समजलें. हे खातीर बिहार प्रांतांतल्या पाटना शारांत वैजकी मिस्योनारां खातीर आशिल्ल्या ''अमेरिकन ट्रेनींग सेंटर'' ह्या केंद्रांत प्रवेश मागून तिणें अर्जी केली. प्रवेश मेळटच ती थंय शिकप करूंक लागली. एन्टलीच्या मठांतल्यान भायर पळेतना चार दुस्मानांची तिणें नोंद केल्ली. तातुंतलो एक दुस्मान - पिडा. आनी ह्या दुस्माना आड - पिडे आड - झुजचे खातीर तिणें वैजकी नर्सीचें प्रशिक्षण पुराय केलें.

वर्स सोंपता म्हळ्यार कलकत्त्यांतले कितलेय वायट परिस्थितीक फुडो करूंक ती तयार जाल्ली. शारांत परत येतकच ती ''लिटल सिस्टर्स ऑफ ध पुअर'' (गरीबांच्यो ल्हान भयणी) हे संस्थेंत ती थोडो काळ रावली. पूण तांच्या वावराचें मळ मात मर्यादीत आसलें. रत्यांचेर पारपळ भोंवप्यांक, पिडेस्तांक आनी मर्णा तणीर आशिल्ल्यांक तांचे दयाळ सेवेचो लाव मेळनासलो. पूण मदर तेरेजान ह्या लोकांची सेवा करूंक व्रत घेतिल्लें. समाजीक सेवा करपी दुसरे पंगड समजतात ते परस तिचे चिंतप वेगळें आसलें. गरजेवंतांनी येवन आपल्या दारार मारीपर्यन्त आपणे रावूंक जायना, पूण आपणे भायर वचून तांकां मेळूंक जाय आनी तांकां भितर हाडूंक जाय म्हूण ती समजताली.

समाजीक वावर करप आपाप शेवट जायना, पूण देवाची सेवा करपाचें एक साधन जाता म्हूण

मदर तेरेजा मानता. हे प्रमाणे ती आनी तिणें स्थापलेले संस्थेच्यो माद्री दिसाचो एक बरो वांटो प्रार्थना करूंक दवरतात. आपूण देवा पासत वावर करतात म्हूण केन्नाच विसरूंक फावना आनी तीं कांठाळ्याचीं कामां करपाक - जीं कामां करूंक जायते जाण विटून पयस वतले - बळ आनी धीर मेळूंक त्यो तो वेळ प्रार्थना करूंक भेटयतात.

सगल्या पयलीं मदर तेरेजाक हें समजून आयलें : ज्या लोकांची आपूण सेवा करतली त्या लोकांनी आपणाक मांदून घेवपाक आपणें शक्य तितलें तांचे सारकी जावपाची गरज आसा हे चितून ता तांचे परीं न्हेसूंक लागली, तांचे सारकी जियेवंक लागली आनी तांचे भाशेनूच उलोवंक आनी जेवंक - खावंक लागली. कापसाची एक सादी साडी ती न्हेसताली. एका नळा सकल ती आपले कपडे उमळताली. ती दिमकुऱ्यांनी रावन फरस धुताली आनी पुसताली. आपल्या हातांनी ती दाळ - शीत जेवताली. ते आदीं ती बुंगाली भास वाचूंक - बरोवंक शिकली आनी सडसडीत उलोवंक लागली.

आपूण आपल्या पांयांचेर उबी रावतली तेन्ना आपूण मोतीझीलाचे झोंपडपट्टेत एक शाळा सुरू करतली म्हूण तिणें तो मठ सोडटाना निचेव केल्लो. १९४८ वर्सा, देजेंब्राचे २१ वेर हो निचेव तिणें सुफळ केलो. पूण त्या दिसा शाळेचीं दारां उकतीं करूंक नात ! शाळेक जेन्ना दारांच नासलीं तेन्ना तीं उकतीं करपाचो प्रस्न कसो उपजतलो ? शाळे खातीर घर नासलें, बांक नासले, काळो फळो लेगीत नासलो. ते बरे माद्रीन थोड्यांक आधाराक घेतलीं आनी एक सुवात कयर कचप काडून निवळ केली. बरें जेवपी - खावपी मध्यमवर्गी भुरग्यांची ती आदली शिक्षिका झोंपडपट्टेंतल्या शिरपुट्या, भुकेस्त पूण उत्सुक भुरग्यांखातीर हातांत एक बारीक बडी घेवन वर्णमाळेंतलीं अक्षरां जमनीर खरवडावंक लागली. सादी प्रार्थना करून ताणीं पाठ सुरू केलो आनी तशीच प्रार्थना करून तो सोंपयलो.

एक नवी पायरी सुरू जाल्ली. ही खबर वर्तमानपत्रांचेर व्हडल्या अक्षरांनी छापून येवंक ना जायत, पूण ती खबर चोंयविशीं शिंपडली. एका मनशान एक मेज आनी थोडे बांक भेटयले. एक परकी मनीस आयलो आनी ते शाळेखातीर मोडपाक ताणें दुडू दिले. हे शाळेंत भुरगीं केन्नाच थोडीं जावंक नात. कारण त्या भुरग्यांक शिकपाक आदीं कोणें संदीच दिवंक ना. थोडीं भुरगीं मौज पळेवपाक म्हूण आयलीं, पूण सगलींच शिकपाखातीर रावलीं. अशे तरेन मदर तेरेजान त्या दुसऱ्या दुस्माना - नेणारपणा - आड झूज सुरू केलें.

शिक्षणामळार मदर तेरेजान ल्हान प्रमाणांत जी सुरवात केल्ली तिचेर लोकांचें व्हडलेंशें लक्ष

''सिस्टर्स ऑफ चॅरिटी'' पिडेस्तांचेर इलाज करताना

वचूंक ना. पूण ती प्रयत्न करीत रावली. आनी आयज तिच्या प्रयत्नांक लागून एकेच्यो पांच आनी पांचांच्यो पंचवीसूच न्हय पूण शंबर अदीकच शाळा जाल्यात. मदर तेरेजा आनी तिच्यो ''सिस्टर्स ऑफ चॅरिटी'' झोंपडपट्टींनी त्यो शाळा चलयतात.

वैजकी बुध्द दिताना एक सिस्टर

संस्थेची स्थापणूक

१९४९ वर्सा फेब्रेर म्हयन्यांत, आपले इत्से प्रमाणें रावपाखातीर एक घर जाय म्हूण मदर तेरेजाक भासलें. हें घर सादारण लेगून जाल्यार उपकारतालें. हे शिवाय तिका आपल्या सारक्यो साद्यो पूण पोटतिडकीन वावरपी सेविका जाय आसल्यो. हे खातीर देव वेवस्था करतलो म्हूण तिका आदीं जो भावार्थ आसलो तोच भावार्थ तिका आयजूय आसा. आनी तिका घर आनी सेविका मेळूंक चड वेळ लागूंक ना.

तिच्या जिवितांत मायकल गोम्स हो दयाळ आनी शेगुणी सज्जन तिका भेटलो. एके माद्रीक रावपाक घराथाऱ्याची गरज आसा म्हूण फादर हेन्री ह्या पाद्रीन ताका सांगलें. मायकलाची आवय मेल्ली आनी तिच्या कुटुंबाच्या साद्या घरांतल्यो तिच्यो कुडी रिकामी आसल्यो. मदल्या कलकत्त्यांत कुंशीच्या एका चालत्या रस्त्यार तें घर उरतालें आनी तें एन्टलीच्या पयल्या घरा पयस नासलें. मदर तेरेजा आपल्या घरांत रावंक आयल्यार आपलो भोवमान जातलो म्हूण मायकल गोम्साक दिसलें. तो भाडें घेवपाक कबूल जायना जालो, आनी आपल्या घरांत जी मुस्तायकी आसा ती लेगून वापरूंक तिका ताणें सम्मती दिली.

मदरच्यो गरजो चड व्हड नासल्यो. तिणें येताना लाकडाची एक पेट हाडली जी तीं मेजा बदलेक वापरूंक लागली. एक ल्हान सुटकेस, पवित्र पुस्तक आनी खुरसार मारिल्ल्या जेजूची प्रतिमा - इतल्योच वस्तू तिचेकडेन आसल्यो. गरज पडलीच जाल्यार ती गोम्साचें एक कदेल वापरताली.

मायकलचीं धूव एक खबर सांगता. एका दिसा सांजेवेळार पावस पडटालो. झोंपडपट्टेंत काम करून मदर परत आयली तेन्ना ती थकून जार जाल्ली आनी भिजून चिंब जाल्ली. तेन्ना अकस्मात दोग पावणे तिच्या दारार आयले. ते उपाशीं आसले. ती तांकां कितें दितली ? तिणें आपल्या बरें - देखप्याक - मायकलाक - एक चीट बरोवन धाडली. ताणें खुशाल मनान ताटभर शीत धाडून दिलें.

मार्स म्हयन्यांत मदर तेरेजाक पयली - वयली वांगडीण मेळ्ळी ती सुभाषिणी दास. एन्टलींत ती मदरची विद्यार्थीण आसली आनी तिचे बराबर तिणे मोतीझीलांत काम केल्लें. ती आतां मदरच्या फुड्यांत येवन तिची आनी देवाची सेवा करूंक राजी जाल्ली. तिणें सोपून घेतलो आनी आपणाक मदरचें पयलें नांव - आगनेस - स्वीकारलें. 'सिस्टर आगनेस' ह्या नांवान तिका आतां पाचारतात. ती मदरची उजवो हात कसो जाल्या. मदर तेरेजा सेवा कार्याखातीर जेन्ना पयसुल्या गावांनी वता तेन्ना सिस्टर आगनेस मुखेल घराचो कारभार चलयता.

सुभाषिणीची देख घेवन आनीकय जायत्यो चलयो रोखड्योच फुडें आयल्यो आनी तांणी सामके गरीबींत रावपाचे आनी आपणांक देवा आधीन करून ताच्या लोकांची सेवा करपाचें व्रत घेतलें. १९५० वर्सा दयाधर्माच्या मिस्योनारांची संस्था - ऑर्डर ऑफ ध मिशनरीज ऑफ चॅरिटी - कलकत्त्यांत स्थापली. हे संस्थेचें मुखेल घर कलकत्त्यांतल्या ५४ ए लोअर सर्क्युलर रोड (आतां आचार्य जगदीश बोस मार्ग) हांगा आसा. ते संस्थेच्या संवसारभर शिंपडलेल्या फांट्यांचें मुखेल कार्यालय कशें तें घर आजूनय आसा.

सुरवातेचीं दोन वर्सां त्या बऱ्या सिस्टरींक कठीनायेचीं आनी अडचणीचीं जालीं. तांकां त्या वेळार आलाशिन्याची चड गरज आसली. जेन्ना जेन्ना त्यो आकांताक सांपडटाल्यो तेन्ना मायकल गोम्स उदार मनान तांका आधार दितालो. जेन्ना जेवण जाय पडटालें तेन्ना मायकल गोम्स हांसत्या तोंडान तें दितालो. जेन्ना एके सिस्टरीक फुगांव आयले आनी तिका वेगळी दवरूंक जाय आसली तेन्ना ताणें तिचेखातीर आनीक एक कूड दिली. ती इल्लीशी कूड सुरवातेक पुरो म्हूण मदर समजताली. पूण जेन्ना तांचो जमो वाडूंक लागलो आनी ती धाकटी कूड पावना जाली, तेन्ना ताणें आनीकय जागो दिलो.

आतां ती संस्था आनी तिचो वावर खूब वाडटालो आनी गोम्स आपल्या उदार मनान जें कितें दितालो तें पावनासलें. तेन्ना आनीक एक उदार काळजाचो मनीस फुडें आयलो. तो पाकिस्तानांत रावंक वतालो. तो मुसलमान आसलो. सेंट जेवियर विद्यालयांत शिकिल्लो देखून

आपूण ख्रिस्ती मिस्योनारांच्या उपकारांत आसा म्हूण ताका दिसलें. ताणें आपलें घर सवाय मोलाक मदर तेरेजाक विकूंक खुशी दाखयली. पूण मदर तेरेजाकडेन दुडू नासले.गरजेक वो आकांताक सांपडटा तेन्ना ती सदांच देवाकडेन मागताली. हेय पावटी ती तेच परीं देवाक प्रार्थना करूंक लागली. रोखडोच देणग्यांच्या रूपान दुडवांचो लोट आयलो आनी मदर तें घर विकतें घेवपाक पावली.

संस्था वाडत आनी घट जायत गेली. सिस्टरी खुशाल मनान वावरूंक लागल्यो. आतांय त्यो तशोच वावरतात. कसलेंय काम हलकें वो कंटाळ्याचें म्हूण त्यो मानीनात आनी आपल्या गुणी हातांनी कसलोय वावर करूंक त्यो फाटीं सरनात. पिडेस्तांचीं कुसून व्हांवतलीं चवनां, किडे पडल्ल्यो कुडी त्यो मोगान धुतात आनी साफ करतात. गरिबांतलो गरीब भिकारी तांकां मेळूं, कितलोय म्हेळो आनी घाणयारो मनीस तांकां सांपडूं त्यो ताका मयपासान न्हाणयतात. आपलें सर्वस्व त्यो जेजू क्रिस्ताचे सेवेखातीर भेटयतात देखून सामके चुरचुऱ्यांचे दशेर आशिल्ल्या मनशाक लेगून त्यो स्पर्शून ताका बदलून उडयतात. संवसारांतलीं सामकीं निरभागी मनशां तांच्या घरांनी रावतात देखून थंय दुख आनी निराशा वसपाची. पूण उलट, तांचीं मुखामळां आनंदान आनी उमेदीन लकलकतात.

त्या माद्रींक कडक कायदे पाळचे पडटात. कलकत्ता शार फांत्यापारचे सुस्त न्हिदेंत आसताना, सकाळच्या ४.३० वरांचेर त्यो उठतात. पयलीं दोन वरां मनन - चिंतन करूंक, मागणीं म्हणूंक आनी मीस आयकूंक त्यो सारतात.

सादो नास्तो केल्या उपरांत त्यो माद्री दो - दोग वो

माद्रींचीं जेवणाचीं आयदनां

गरिबांखातीर भलायकी आनी नितळसाण

अदीक जाणांचे पंगड करून तांकां वांटून दिल्लीं कामां करूंक वतात. आनी शार जागें जातां जातां त्यो आडकुशीच्या आनी मुखेल रस्त्यांनी भोंवतात, झोंपडपट्ट्यांनी आनी वस्त्यांनी वचून भुकेन वळवळतल्यांक, दळद्रियांक आनी मरणा तणीर आशिल्ल्याक सोदून काडटात. त्यो कचऱ्याच्यो राशी उस्तून तांतूंत ल्हान भुरग्यांक सोदतात. केन्ना - केन्नाय तसल्या घाणी - गुठाणीच्या गायरिंनी ल्हान बाळकां उडयल्लीं आसतात. प्रत्येक जीव पवित्र म्हण त्यो माद्री मानतात, आनी जांकां संवसारान नाकारून सोडून उडयल्यांत तांकां व्हरून त्यो आपणायतात. मदर तेरेजान आपल्या सिस्टरीक सांगून दवरलां : "दुसऱ्यांक दुखोवन तुमी चमत्कार केल्ले परस तुमी तुमच्या दयाळपणांत चुकी केल्यार म्हाका परवडटलें."

मदर तेरेजा परीं तिचे दर एके सिस्टरीकडेन दोन खरबरीत साडयो, एक मागण्यांचें पुस्तक आनी खिळावन आशिल्ल्या क्रिस्ताचो खुरीस - इतल्योच वस्तू आसतात. हे शिवाय तांचेकडेन आनीक कसलेंच धन ना. तांकां भेटूंक येतात त्या तांच्या सोयऱ्यांकडेन वो इश्टांकडेन त्यो आपणांखातीर कांयच घेनात. थोडें कितेंय तांकां खावपाचें भेटयल्यार त्यो वांटून घेतात. आपले कप्डे त्यो आपणच धुतात आनी हेर सगलीं कामां खूद करतात. तांच्या चडश्या घरांतले म्हेळे कपडे मुखेल घरांत माद्री उमळटात.

एकदां एकलो मनीस मदर तेरेजाक एक धुवपा मशीन भेटोवंक फुडें आयलो. हे विशीं दुसऱ्या माद्रींकडेन उलंवणीं केल्या उपरांत मदर तेरेजान नमळायेन तें नाकारलें. तांकां बालद्यो, साबू आनी उदक इतल्योच वस्तू पुरो आसल्यो.

तांच्या मुखेल घरांत पंखे नात, पूण पावण्यांखातीर आशिल्ल्या वसऱ्यांत मात आसात. पावण्यांनी पुराय गरीबीचें व्रत घेतलेलें ना. आपणाक आनी आपल्या सिस्टरींक ''देवालें बरें वारें'' जायतें आसा म्हूण मदर म्हणटा.

तरीय मदर वेव्हारी आसा. म्हूण ती तंत्रविद्येचो तिरस्कार फकत नाकार करूंक जाय करना. अकालीन भुरगीं जीं तिका मेळटात वो तिच्या दारा उंबऱ्यार लोक सोडून वतात तांकां जियेवपाचो सोयेग मेळचो म्हूण तिका खाणेयंत्रां (इनक्युबेटर) दान दिल्लीं तीं तिणें खुशाल मनान स्वीकारलीं.

दुखेस्तांचो आसरो

कलकत्त्याच्या रस्त्यांचेर आनी झोंपडपट्ट्यांनी घरदार नाशिल्ले आनी दळदिरे पडून आसताले तांकां पळोवन मदर तेरेजाचे दयाळ दोळे दुकांनी भरताले. तांकां त्या दळदिरांत सोडूंक तिका पुटवना जालें. ती जमनीर उकड्यां बसून पिडेस्तांक उदक - वखद पियेवंक दिताली आनी तांकां बुजवणेचीं चार उतरां सांगताली.

एकदां, पावसाच्या एका दिसा, रस्त्यार एक बायल मरणा तणीर आशिल्ली मदर तेरेजान पळेली. तिणे तिका उखलून लागीं आशिल्ल्या एका घराचे पडवेर दवरली. तिणें बाबडेन मदर तेरेजाच्या गोपांत आपलो प्राण सोडलो. पूण मरताना तिच्या ओंठांर अमुरको हांसो फुल्लो. त्या दिसा थावन एक चिंता तिका सतावंक लागली. मरणा तणीर आशिल्ल्यांक हाडून तांचो देखभाल करपाखातीर तिका एक घर जाय आसलें. तें मेळपर्यन्त तिका सुख लागना जालें. जरीय तांचें सगलें जिवीत कोणाचोय आलाशिरो नासताना दळदिरपणांत गेलां, तरीय तीं, परपाय भोंवतल्या जनावरां परीं, कोणाचोच मयपास नासताना, निमाण्या वेळार रस्त्यार मेल्लीं तिका नाका आसलीं.

एक दिसा मदर तेरेजाची इत्सा फळाक आयली. एका दयाळ वैजान आपल्या घराभायर आशिल्ल्या बुतकाची पडवी तिका वापरूंक दिली. कोणें एकल्यान एक मेज धाडून दिलें; दुसऱ्यान एक कदेल दिलें, आनी तिसऱ्यान गपचूप वखदां हाडून दारा उंबऱ्यार दवरलीं.

पूण कलकत्त्यांत जो गंभीर प्रस्न आसा तो नियाळीत जाल्यार इतले भितरीच तो कायमचो

सुटचो नासलोः दुसरो आनीक कसलोच उपाय दिश्टी पडनासलो तेन्ना एका वेगळ्याच वाठारांतल्यान तिका आधार मेळ्ळो. शारांतलें काली मंदिर जगप्रसिध्द आसा. हजारांनी मनशां हांगा प्रार्थना करूंक आनी बळी अर्पण करूंक येतात. मरपाक येतात त्या लोकांचें चिंतूनच मदर तेरेजान म्हानगर पालिकेन दिल्ली भेट स्विकारली. ही भेट कसली? त्या मंदिराच्या दुरगाक तेंकून एक ल्हान अगरसाळ आशिल्ली ती तिका वापरूंक दिली. देसांतल्या अनेक भागांतले लोक जे त्या मंदिरांत येताले तांच्या रावपाची वेवस्था करूंक ती अगरसाळ म्हानगरपालिकेन बांदलेली. कांय वर्सां उपरांत ती अगरसाळ जुगाऱ्यांची आनी बेबद्यांची धोल जाली. त्या पवित्र थळा बगलेक तसलीं अपवित्र कतुबां घडटालीं देखून कोणूच खुशाल नासलो हे सभावीकच. ते पासत अधिकाऱ्यांनी कायद्याभायलीं कामां करतल्या त्या समाजघातक्यांक धांवडायले आनी अगरसाळ मेकळी करून मदर तेरेजा सुवादीन केली.

मरणा तणीर आशिल्ल्या निरभाग्यांखातीर मदर तेरेजाक शेवटीं घर मेळ्ळें, आनी तिच्या तिसऱ्या दुस्माना आड झूज सुरू जालें. हो दुस्मान म्हळ्यार जतनायेचो अभाव. ते सुवातेक 'निर्मल हृदय' - निर्मळ काळजाची सुवात - नांव दिलें. हांगासर मदर आनी तिच्यो सिस्टेरी संवसारान सोडून दिल्ल्या मनशांक, तांच्या निमाण्या वेळार, घटाय आनी मयपास दितात. जिवितांत तांकां मोग मेळूंक ना, तांची कोणेच पर्वा करूंक ना. पूण हें सगलें तांकां थंय तांच्या मरणा - पलंगार मेळटा. जायते पावटी तांची निमाणी इत्सा सादी आसता. जर तीं मनशां हिंदू जाल्यार तीं घोंटभर गंगाजल मागतात आनी क्रिस्ती वो मुसलमान आसल्यार निमाण्यो प्रार्थना करूंक विनयतात. केन्नाय तांकां फकत एक सिगरेट वो विडी ओडीन दिसता, वो तांकां आपलें निमाणें पक्वान्न कशें बशीभर शीत जेवीन दिसता. त्यो माद्री तांच्या इत्सा पुऱ्यो करतात, आनी, चड म्हत्वाचें म्हळ्यार तांकां त्यो मोग - मयपास दितात. आपणांक मोग मेळटा आनी आपणांची पर्वा करतात, जतन घेतात म्हूण त्या निरभाग्यांक कळटा आनी ही जाणीव आसून तीं निमाणे सुस्कार सोडटात.

पूण, सुरवातेक, थोड्या लोकाक दुभाव येवंक लागलो. हिंदू मंदिराच्या प्राकारांत क्रिस्ती धर्माचे एक मठवाशीणीन आपलें कार्य चालू करपाची येवजण तांकां आवडूंक ना. मरणा तणीर आशिल्लीं मनशां आपले परिस्थितीक लागून प्रतिकार करूंक शकनात तेन्ना मदर तांकां बाटोवन क्रिस्ती धर्मांत हाडूंक धडपडटा म्हूण तांकां दिसलें. आनी तांणी पुलिसेकडेन तक्रार दिली.

पुलिसेचो आयुक्त त्या घरांत गेलो. एक माद्र एका मनशाचीं घाणयारीं चवनां मोगान साफ

करता आनी तांकां वखद लायता तें ताणें पळेलें. ताका चड मनस्ताप जालो. ताणें परत येवन ती फिर्याद करप्यांक सांगलें : ''तुमकां जाय जाल्यार ते माद्रीक ती सुवात सोडूंक सांगतां, पूण एके अटीर. तुमी तुमच्या आवयांक आनी भयणींक ते सुवातेर हाडात आनी ती माद्र जें काम करता तें तांचेकडेन करून घेयात.''

त्या लोकांक आपली चूक समजून आयली आनी जायते जाण मदर तेरेजाक, तिच्या त्या घरांत येवन, आधार दिवंक लागले. मरणा तणीर आशिल्ल्या आनी दीन - दुबळ्यां खातीर एक आसरो करपाचे कल्पनेन जायत्यांचीं मनां खरेपणीं मवाळ केलीं. संवसाराच्या चारीय कोनशांतले दांडगे दादले आनी तरणाट्यो बायलो पेल्याचो मोग करपाचे निर्मळ भावनेन आपले सुटयेंत हांगा येतात आनी आपखुशेन दळदिऱ्यांची सेवा करतात. तांकां हिंदी वो बंगाली समजना जायत पूण पिडेस्तांचेर उपचार करपाची काळजाची भास सगल्यांकूच समजता.

रस्त्यार पडून आशिल्ल्या आनी मरूंक पावलेल्या दळदिरांक केन्नाय माद्री, केन्नाय अनवळखी आनी केन्नाय पुलीस घेवन येतात. ओस्पितालांनी तांकां घेनात कित्याक थंय पिडेस्तांची गर्दी जाल्ली आसता. आनी बरो जावपाचो भरवंसो नाशिल्ल्यान एका दीन - दुबळ्याक मोलादीक खाट दिवप म्हळ्यार उमथ्या कळश्यार उदक म्हूण ते समजतात. पूण निर्मल हृदयांत तांकां बरो येवकार मेळटा. थंय तांकां न्हाणयतात, जेवयतात, तांचो तातोमाथो करतात, आनी तांच्या फुड्यांत, तांणी निमाणो सुस्कार सोडीपर्यन्त, कोण पूण आसता.

जे मनीस सामके मरपाचे आसात तांचे खातीर इतले त्रास कित्याक घेता काय म्हूण एका दिसा एका पत्रकारान मदर तेरेजाक विचारलें. ''मरण जेन्ना येतलें तेन्ना घडये तें म्हज्यान आडावंक जावचेंना. पूण आपली माया कोण पुण करता म्हणपाची घटाय मात मरतल्याक म्हज्यान दिवूं येता'' - तिणें ताका जबाब दिलो.

कालीमातेच्या मंदिरालागीं मदर तेरेजा काम करता तें त्या मंदिरांतले भट लेगीत आतां मांदून घेतात आनी तिच्या वावराकडेन ते आदरान पळेतात म्हूण लोक सांगतात. तांच्या मनांत हो बदल सगल्यां फाटल्यान जालो हें सभावीकच. परधर्माचीं मनशां तांच्या वाठारांत रिगतात तेंन्ना तांच्या मनांत पूर्वग्रह उपजता. हे खातीर, खरेपणीं, तांचो गुन्यांव करूंक जायना. तांकां मदर तेरजाचो राग येतालो. तिका धांवडावपाक आनी तिणें तें काम चालू दवरना जावपाक तांणी आपणांकडेन घडटा तितलें केल्लें.

उपरांत, एका दिसा, एका भटाक शिरशिरी (कॉलेरा) जाली.

मरणातणीर आशिल्ल्या दीन-दुबळ्यांची सेवा →



शिरशिरी वशाची पिडा देखून ताका तें मंदिर सोडचें पडलें. एकाय हॉस्पिटलांत ताका घेवंक ना. तो रस्त्यार पडलो - मरपाक! मदरच्या सहकाऱ्यांनी ताका निर्मल हृदयांत हाडलो. हांगा तांणी मायेमोगान ताचें वायट काडलें आनी तो बरो जालो. भटांनी हें देखलें तेन्ना हांगा कोणूय पूण देवाचो वावर करपी आसा म्हूण तांची खात्री जाली. त्या दिसा थावन तांच्या आचरणांत बदल जालो. ते मदर तेरेजाचे प्राणमित्र जावन तिची तोखणाय करूंक लागले.

कोणाकूच निर्मल हृदयांतलो परत धाडूंक ना. कसलोच प्रस्न विचारीनासतना, सगलीं देवाचीं भुरगीं म्हूण समजून तांची बरो परामस करतात. थंय पळोवंक गेल्ल्या एका मनशान सिस्टर लुकाक विचारलें : ''ह्या इतल्या लोकांची सोय करूंक तुमी खाटी कश्यो मेळयतात?'' तिणें जाप दिली ''हें तांचें घर, मागीर खाटींचो प्रस्न खंय येता?''

निर्मल हृदयांत फकत दोन लांब रूंद कुडी आसात - एक दादल्यांखातीर आनी दुसरी बायलांखातीर. त्या कुडींनी सुमार ३०० जाणांक दवरूंक जातात. दर एके कुडींत जोडयेन दोन लांब सरयो आडव्यो बांदल्यात आनी रातच्या वेळार तांचे वयल्यान मसुऱ्यो घालतात. ती सुवात सामकी निवळ-नितळ आसता.

हांगा सगलेच पिडेस्त मरूंक येतात अशें ना. थोडें, त्या भटाभाशेन, तांकां वखदां आनी ोवण-खाण दिवन तांचो सांभाळ करतच ते बरे जातात. ही एक घडणूक : घरदार नाशिल्लो एक तरणाटो फळां विकपी आसलो. ताच्या पांयांक मार लागलो. ताणें इलाज करूंक नात देखून तो पांय कुसूंक लागलो. ओस्पितालांत ताका घेवंक ना, आनी कालीघाटाचे लागीं एका रस्त्यार ताका मरपाक सोडलो. सिस्टरींनी ताका उबारून व्हेलो. ताचो कुसलेलो पांय कातरलो आनी ताका एक कृत्रीम पांय हाडून दिलो. रोखडोच तो चलूंक लागलो. तांणी ताका फकत नवो पांयच दिवंक ना, पूण एक नवें जिवीतय ताकां दिलें.

भावार्थाची आनी जिविताची नवसरणी

मरतल्या खातीर मदर तेरेजाचो वावर फाकिवंत जाल्लो आसा. तेच परीं, जल्मतांच उबंत उडयल्ल्या भुरग्यां खातीरय जी सेवा ती करता तीय लोकप्रितीची जाल्या. गरीब - दुबळीं, अनाथ, सोडून दिल्लीं, परो घाल्लीं भुरगीं ह्या संवसारांत कोणाक जाय? असल्या भुरग्यांखातीरय तिचीं जायतीं घरां आसात. ''निर्मला शिशुभवन'' हें असलें पयलें घर. तें मुखेल घराथावन एक उल्या वाटेर, आचार्य जगदीश बोस मार्गार आसा. त्या घराचे शिडये माथ्यार एक अप्रूप असो रंगीत तकटो पळेवन आनी ताचे वयलो संदेश वाचून थंय पावतलो मनीस चकीत जाता : ''गरीबांक तुजो मोग जाय, फकत तुजी सेवा नाका.'' मूठभर मोडीचे दुडू उडयल्ले परस, वो एक चादर, वो इल्लेंशें जेवण दिवपा परस मोग दिवप अदीक श्रेश्ट. मोग करप म्हळ्यार तुवें तुजेच कुडीचो एक वांटो दिवप. जे कोण देणग्यो दिवंक येतात तांकां मदर अशी मागणी करता. वस्तूंची, दुडवांची मजत म्हत्वाची, पूण जे कोण आपूण सेवा करूंक राजी आसात म्हूण सांगतात तांचेकडेन ते परस अदीक कितेंय मेळोवपाची अपेक्षा आसता.

ओस्पितालांनी कांय आवयो आपल्या भुरग्यांक जल्म दिल्या उपरांत तांकां थंयच सोडून वतात. तीं भुरगीं कोणाक नाकात. असल्या भुरग्यांक नर्सी घेवन येतात. कांय बाळकांक मुखेल घरादाराकडेन वो निर्मला शिशुभवनाच्या उंबऱ्यार हाडून सोडटात. कचऱ्या आयदनांनी आनी गटरांनी मरूंक सोडलेल्या भुरग्यांकूय त्यो सोदून हाडटात म्हूण तुमकां खबर आसा. जल्मतांच भायर उडयल्ल्या बाळकांक आनी तांच्याहून मातशीं व्हड आशिल्ल्या भुरग्यांक तांच्या

जगपापासत गरजेचें सगलें - जेवण-खाण, इलाज-वखदां, न्हेसप-पांगरप, घराथारो आनी म्हत्वाचें म्हळ्यार मायेस्त जतनाय मेळटा. तीं भुरगीं उपेगी नागरीक जावंक तांकां बरे रिती-देखीन वाडयतात.

बऱ्या मार्गार येयीत म्हूण भरवंसो नाशिल्लीं, व्हडलीं भुरगीं लेगीत, तांकां माया - मोग मेळटा म्हूण समजतच, बदल्ल्यांत आनी सुदरल्यांत. ही एका भुरग्याची खबर. १९६८ वर्सा पुलीस आयुक्तान एका भुरग्याक हाडून मदर तेरेजाकडेन दिलो. ताका चोरी करपाची, पाकिटां मारपाची संवय आसली. ताका बंदखणीची ख्यास्त दिल्ली, मार-पेट दिल्लो, सुधारशाळेंत दवरलेलो. पूण ताची चोरी करपाची संवय कशीच मोडना जाली. मदर तेरेजान ताका घराथारो आनी मोग दिलो. थोड्या काळाभितर तो एक वेगळो मनीस जालो - प्रमाणिक, जबाबदार आनी सहकारी.

कांय वर्सांभितर सुमार १०,००० भुरगीं निर्मला शिशुभवनांत हाडून दवरली. ल्हान बाळकांक त्यो मायेस्त सिस्टरी आपल्या गोपांत दवरून मोगाची ऊब दितात. भुरगीं वाडटात तेन्ना तांकां वाचूंक - बरोवंक शिकयतात, शाळेक धाडटात आनी पोट भरपाचो वावर - उदेग शिकयतात. उपरांत तांकां आपलो घर -संवसार करूंक आधार दितात. जायते पावटी त्या चेडवांचीं लग्नां बऱ्या घराब्यांनी जातात. सादें लग्न करूंक ज्यो गरजेच्यो वस्तू जाय पडटात त्यो तांकां भवन दिता. मदर तेरेजाच्या चेडवांक बरे देखीन वाडयल्यांत देखून जायते आवय - बापूय आपल्या पुतांखातीर होकलो मदर तेरेजाच्या भुरग्यांभितर सोदूंक येतात.

अलबत, हीं सगलीं कामां फकत मोगान करूंक जायनात, पूण दुडूय जाय पडटा. आयज मदर तेरेजा किर्तीवंत जाल्या आनी संवसाराच्या चारीय कोनशांतल्यो देणग्यो तिका घे म्हणून येतात. पूण जेन्ना लोकाक तिची वळख- पाळख नासली, आनी जे मनीस तिणें हाडलेले तांचो सांभाळ कसो करप, तांकां जेवण-खाण खंयचें हाडप हे गंभीर प्रस्न तिचे मुखार आसलो तेन्ना लेगीत ती निराधाऱ्यांक आलाशिरो दिवंक केन्नाच फाटीं सरूंक ना. दीन - दुबळ्यांची आनी पिडेस्तांची जबाबदारी आपल्या अस्कत भुजांचेर घेवंक तिचो अखंड भावार्थ तिका घटसाण दिता. देव आपल्याक पावतलो म्हूण ती सदांच मानून आयल्या, आनी देवान तिका केन्नाच फटोवंक ना.

कांय वर्सां फाटीं तिणें हातांत फावो तितले दुडू नासताना आग्रा शारांत एक बाळ-घर बांदपाचें काम सुरू केलें. अर्दें काम जाल्लें, पूण तें चालू दवरूंक तिका गरजेन ५०,०००/- रु.

← मोग दिवपी आनी काळजी घेवपी सिस्टर

जाय आसले. त्ती येवजण आतां सोडून दिवची - आनी बराबर ती आधार दिवंक सोदताली त्या भुरग्यांकय - म्हूण तिच्या मनांत जालें. तेन्नाच तिका टेलेफोनावेल्यान एक संदेश आयलो. तिका मॅगसेसे पुरस्कार फावो जाल्लो. मानपत्रा शिवाय रोख पन्नास हजार रुपया - सामके तिका जाय तितलेच दुडू - फावो जाल्ले. तिचें मुखामळ परजळ्ळें आनी तिणें आपल्या सहकाऱ्यांकडेन अशे उद्‌गार काडले : ''तें घर उबें केल्लें देवाक जाय !''

आनीक एक पावटी हिंवाळ्यांत कडक थंडी पडली. शिशुभवनांतल्यो सिस्टेरी अस्कीत चिंतनेंत पडल्यो. शिंयान कडकडटल्या भुरग्यांक पुरो तितल्यो कांबळी नासल्यो आनी धाबळ्यो करूंक कापूसय नासलो. भुरग्यांक गरमी दिवंक मदर आपलो कुलच्यांव इस्कुटावन तांतुंतल्या कापसाचो उपेग करूंक सोदताली. तेन्नाच मुखेल घराच्या दारावयली घंटा वाजली. एकलो मनीस आपली बदली विदेशांत जाल्या म्हूण सांगूंक आयल्लो. आपलीं नवीं कशीं आशिल्लीं चादरां, धाबळ्यो आनी गादयो शिशुभवनाखातीर दवरूंक तांकां खुशी आसा काय म्हूण ताणें विचारलें.

मदर तेरेजाच्या घरांनी असले ल्हान चमत्कार जायते पावटी घडटात. एकदां तांचेकडेन तांदूळ नासले. भुरग्यांक जेवंक कितें दिवप काय म्हूण त्यो चिंतूंक लागल्यो. तितल्याक एक बायल एक पोतेंभर तांदूळ घेवन आयली.

आनीक एके पावटी कनिश्टायेक लागून तांच्या घरांत सामकें वायट दीस आयिल्ले. भुरग्यांक नातलांचे परबेक पार्टी दिवंक जावचीना म्हूण दिसतालें. असल्या उत्सवा दिसा तांकां विशेश जेवण आनी भेटो मेळटाल्यो. भुरगीं वर्सभर नातलांचे परबेची वाट पळोवन आसलीं आनी निमाण्या वेळार तीं निराशी जातलीं हें चिंतून त्या सिस्टरीचीं काळजां खंतीभरीत जालीं. पूण अकस्मात एक अनवळंखी मनीस आयलो आनी ताणें एक लखोटो मदत तेरेजाच्या हातांत दिलो. तांतूंत दुडू आसात ते तिका जाय तशे मोडचे, पूण भुरग्यांखातीरच ते वापरचे म्हूण ताणें सांगलें. लाखाट्या भितर शंबर - शंबर रुपयांची धा करकरीत नोटां आसलीं. जायत्या वर्सांनी एक उत्तम पार्टी त्या नातलांक भुरग्यांक लाभली.

पूण केन्ना - केन्नाय तो अकल्पीत अनवळखी येवन दारावयली ती किर्तीवंत घांटी वाजयना. तेन्ना मदर दुसरें बेस बरें काम करता : ती दुडवांची मजत मागूंक भायर वता.

नांवादिक पत्रकार आनी लेखक श्री. खुशवंत सिंग एक गजाल उगडास करून सांगता. एके पावटी तो मदर तेरेजाक भेटूंक गेल्लो. तिणें एके घडणुकेचो उल्लेख केल्लो. बिस्कुटींच्या एका

कारखान्यांतल्यान् सदांच मोडलेल्यो बिस्कुटी शिशुभवनाक येताल्यो. पूण त्या वर्सा अर्थीक अडचणींक लागून कारखान्याच्या कारभाऱ्यांकडून सदांचे चालीप्रमाण भेट धाडून दिवपाक जावंक ना. मदर त्या कारखान्याच्या जुवान धनयाक भेटूंक गेली. उत्पादन खर्च वाडला देखून तांकां त्यो मोडलेल्यो बिस्कुटी लेगीत विकच्यो पडटात म्हूण ताणें समजणी दिवन सांगलें.

मदर तेरेजान ताचेकडेन भासाभास करूंक ना. फकत आपल्या उपाशीं आशिल्ल्या भुरग्यांक त्यो बिस्कुटी कितल्यो आवडटाल्यो तें सांगलें. तीं भुरगीं कितलीं उदास आसात आनी तांच्या जिवितांत जायत्यो वस्तू तांकां मेळनात, तीं खुशाल नात - हाचें एक जिवंत चित्र तिणें ताच्यामुखार काडलें. धनयाच्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. मोडलेल्या बिस्कुटींचो सगलो सांठो मदर तेरेजाचे मोटारींत घालूंक ताणे हुकूम दिलो.

मदर तेरेजाच्यो सगल्यो वस्तू कमी जायत वचत, पूण तिचो भरवंसो केन्नाच कमी जायना. आनी सुरवातेक सावन परमेश्वर तिच्या आधाराक येता.

शिल्डा स्टेशनालागीं एक व्हडलो गुदाव मदर तेरेजाक दिलो. तिणें ताचें रूप बदलून एक नितळ आनी सुंदर घर तयार केलें. तातूंत घरदार नाशिल्ल्या भुरग्यांक आनी निराधारी तरणाट्यांक सुरक्षीत आसरो मेळटा. हांगा दिसावेळार भुरग्यांक वाचूंक, बरोवंक आनी कसलोय हातवेवसाय करूंक शिकयतात. रातच्या वेळार घरदार नाशिल्लीं भुरगीं थंय न्हिदतात. जे राती त्या आसऱ्याची उक्तावणी जाली. कोणे त्या लोखणी दारार अशे भिरकायले : ''मोग म्हणजे देव.'' मदरचे शिकवणेचो आपरोस होच. प्रवचनाचेर न्हय, पूण सेवेचेर तिचो विस्वास आसा. पेल्याची सेवा हीच देवाची सेवा म्हूण ती मानता.

मदरच्या घरांत काळ्या फळ्यार दर दिसा प्रार्थना बरयतात. तांतूंत ही एक सदांच बरोवन आसता :

शांतीचें फळ - प्रार्थना
प्रार्थनेचें फळ - श्रध्दा
श्रध्देचें फळ - मोग
मोगाचें फळ - सेवा

आनीक कित्याचेय उदेशीं घडना जायत, पूण श्रध्देवरवीं सगलें घडूं येता. कांय दीस पयलीं मदर तेरेजा अमेरिकेंत गेल्ली. निधी वाडवपाखातीर त्या देसांतल्या विम्याच्यो आनी हेर हिताच्यो येवजणो आसात तांचो लाभ घेवचो अशें तिच्या यजमानांनी तिका सुचयलें. मदर तेरेजान तांच्यो

शिशुभवनांतलीं खुशाल भुरगीं —>

सुचवण्यो मांदून घेवंक नात. ते परस लोकांकडेन खासगी देणग्यो मेळटात तांचेर आपूण चड पातयेता आनी लोकांनी आपणाक सदांच मदत दिल्या म्हूण तिणें सांगलें. अमेरिकेच्या आपल्या बरें मागप्यांक तिणें सांगलें, ''देव सदांच आमकां पावलां. तर हांगा अमेरिकेंतूच तो असकीत दिवाळें काडटलो म्हूण तुमकां दिसता ?

अमंगळ कांयच ना

पिडेस्तां मदें कुश्टरोग जाल्ल्यांक आजूनय लोक चड भियेतात आनी तांकां पयस दवरतात. आदल्या काळार कोडाच्या पिडेस्तांक गांवाभायर वस्ती करून रावचें पडटालें. ते गांवांत येताले तेन्ना तांणी कांपीण वाजवन "अशुध्द, अशुध्द" म्हणून बोब मारून लोकांक शिटकावणी दिवची पडटाली. आधुनीक विज्ञानान ह्या रोगाचेर इलाज आनी वखदां सोदून काडल्यांत आनी, अमके एके पायरेपर्यन्त सतत उपाय घेतल्यार तो रोग वशाचो जावंक पावना. तरीय कुश्टरोग्यांक जी अपमानाची वागणूक मेळटाली तांतूंत व्हडलोसो बदल जावंक ना. आयज लेगून कोडकारांक तांच्या कुटुंबांतलीं मनशां वाऱ्यार सोडून दितात. समाजांत तांकां अस्पृश्य जाल्ले परीं लेखतात.

मदर तेरेजा आनी तिच्यो दयाळ सिस्टरी रस्त्यार सोडलेल्या निराधाऱ्यांक जसो आधार-आलाशिरो दितात तेच परीं कुश्टरोग्यांकूय त्यो आसरो दितात. त्यो खुद्द आपल्या हातांनी तांच्यो जखमो धुतात, तांचेर मलमपट्टी करतात आनी तांकां वखदां दितात.

श्री. डेस्मंड डॉइग हाणें मदर तेरेजाचेर एक पुस्तक बरयलां. भिरांकूळ कुश्टरोग जाल्ल्या मनशाकडेन मदरची पयली भेट कशी जाली ताचें वर्णन ताणें केलां. एके झोंपडपट्टेंत मदर पिडेस्तांची सेवा करताली. त्या वेळार कोड जाल्ल्या एका मनशान आपलो कुसलेलो आंगठो वयर काडलो. तो कातरून उडोवंक जाय म्हूण मदर जाणा आसली. तिचेकडेन फकत कातर आसली. काळीज निबर करून ती गेली आनी ताचो तो आंगठो कातरून उडयलो.

असल्यो शस्त्रक्रिया करूंक आयज त्या सिस्टेरींक योग्य प्रशिक्षण दिलां. निधी एकठांय करून कुश्टरोग केंद्रां स्थापल्यांत. कलकत्ता लागीं आशिल्ल्या कुश्टरोग-घराक हें सुंदर नांव दिलां :

''प्रेम दान'' -.मोगाची भेट. थंय पिडेस्त, त्या शांत वातावरणांत, हेर मनशां सारके बरी जीण जियेतात आनी उपेगी जातात. तांकां बरे करून तांचे आदले दशेर हाडल्यात आनी ते समाजाचे वावुरपी वांगडी जाल्यात. कलकत्त्याच्या उपनगरांत टिटाघर लागीं मदर तेरेजान ''प्रेम निवास'' - मोगाचो घरवास - उबो केला. हांगा बरे जाल्ले कोडकार एकठांय रावतात आनी काम करून पोट भरतात. ते काथ्याचीं दोरां, पिशव्यो आनी मांदऱ्यो करतात. कलकत्त्याच्या रस्त्यांचेर हजारांनी आडसरांचीं आडकापीं उडयल्लीं आसतात तीं विंचून हाडून तांचो ते काथो तयार करतात. हे वरवीं दुपेट फायदो जावंक पावता. कचऱ्याच्यो भारी राशी पडून आशिल्ले रस्ते साफ जातात आनी बेकारांक काम मेळून ते परतून आपलें उदरपसण करूंक पावतात. मदर हे विशीं म्हणटा : ''कचऱ्याचें भांगर तयार करप.''

निब्रन हाची गत पळयात. तो एक 'धंदेकार' भिकारी आसलो. तो आंगार बोंतरां चडोवन आनी हात-पांयांक विक्राळ चवंदां पडलेले भाशेन रंग काडून, आपूण एक कुश्टरोगी म्हूण धोंग करतालो आनी कालीघाट देवळालागीं भीक मागतालो. पूण एका दिसा खरेपणीं ताका तो रोग जाला म्हूण समजलें तेन्ना ताची दशा कितली भिरांकूळ जाली आसतली हाची कल्पना करात. पूण सुदैवान ताका ''प्रेमदान'' घरांत व्हेलो. थंय ताचेर फावो ते उपचार करतकच तो निगूत बरो जालो. पूण त्या अणभवाक लागून तो बदल्लो. तो बदल फकत ताचे कुडींतच जावंक ना पूण ताच्या मनांतय जालो. आपूण एकलो एकसुरो म्हूण तो चिततालो ते परीं आपूण ना म्हूण ताका समजलें. आपली

कुश्टरोग - केंद्र

मदर तेरेजा कोडाच्या पिडेस्तां सांगाताक

काळजी करपी मनशां आसात म्हूण ताची खात्री जाली. ताचो आत्मविस्वास घट जालो. परत भीक मागचोना म्हूण ताणें निचेव केलो. आपणें कसलेंय पूण उपेगाचें काम करूंक जाय म्हूण ताणें थारायलें. आनी तशेंच ताणें केलें. आतां तो शांती नगरच्या दवाखान्यांत काम करता. तो ते संस्थेचो एक उर्बेवंत, उद्योगी, माणसुगेचो आनी आनंदी वांगडी जाला.

बंगाली लेखक सुदेव रे चौधरी मदर तेरेजा बराबर सोदेपूर हांगाच्या कुश्टरोग - केंद्राचे उक्तावणेक गेल्लो. तेन्ना मदले पिरायेचो एक दादलो मदर तेरेजाक म्हणूंक लागलो : ''तुमकां लागून म्हजी धुव बरी जाली. तिची सोयरीकय जाल्या. पूण भांगराची मुदी, हेर गरजेच्यो वस्तू आनी दोत - देणें दिवपाक आमकां तांक ना.'' मदर तेरेजान रोखडीच जाप दिली, ''देवान तिका बरी केल्या, आनी आतां ह्यो ल्हान - सान गरजोय तो पुऱ्यो करतलो.'' आनी, एके सिस्टरीकडेन वळून तिणें म्हळें : ''ते धाकटे पेटेंत पळे. म्हाका दिसता तांतूंत एक भांगरा - मुदी आसतली.'' मुदी आनी हेर वस्तूय मेळ्ळ्यो आनी ते चलयेचें लग्न जालें.

मदर तेरेजाचे ''मिशनरीज ऑफ चॅरिटी'' हे संस्थेचीं ११९ कुश्टरोग - केंद्रां आसात आनी तांतूंत १,८३,००० पिडेस्तांची जतनाय घेतात. मदर तेरेजाक जे अंतरराष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्यात तांचे सगले दुडू तिणें गरीब - दुबळ्यां आनी पिडेस्तांपासत खर्चिल्यात. तिच्या वावराची खबर जशी जशी पसरत वता तशी तशी दुडवांची झर तिच्या फुड्यांत व्हांवत येता. ह्या दुडवांक लागून मदर तेरेजा आनी तिचे संस्थेच्यो भयणी गरजेवंतांचो परामस करूंक पावतात.

ल्हानांतली ल्हान लेगीत भेट दिल्यार त्यो केन्नाच परतीनात.

१९६४ वर्सा पापसायब पावल (सवो) भारतांत आयिल्लो. तेन्ना अमेरिकेचे फोर्ड मटरां - कंपनीन पापसायबाक हांगा भोंवडी करपाखातीर एक चक्क बरी गाडी दिल्ली. आपली भोंवडी सोंपतच पापसायबान ती गाडी मदर तेरेजाक भेट म्हणून दिली आनी ''तिच्या विश्वव्यापी मोगाकार्याक म्हजो सहकार'' म्हूण ताणें सांगलें. गरीबांतल्या अत्यंत गरीबासारकें जिवीत जगपाचें व्रत घेतलेले मदर तेरेजाक ते भव्य गाडयेचो उपेग कितें? पूण मदर तेरेजान ती गाडी विकची न्हय म्हूण थारायलें. तिचे तकलेंत दुसरी एक बरी येवजण आयली - ती गाडी सोर्तीक घालपाक. गाडी विकून जे दुडू तिका मेळटले आसले ते परस चार पटींनी चड - सुमार पांच लाख रुपया - सोर्तीं उदेशीं तिका मेळ्ळे. १९७१ वर्सां मदर तेरेजाक २१,५०० डोलारांचो पापसायब तेविसावो जुआंव शांती पुरस्कार फावो जाल्लो. तेय दुडू बंगालच्या कोडा - पिडेस्तांखातीर तिणें वापरले.

लाचारांक धीर - आधार

मदरचे हात खूब लांब आसून ते मरणा तणीर आशिल्ल्यांक, निराश्रितांक पिडेस्तांक आपलेहून वेंगेंत घेतात. हें आमी पळेलांच, आतां तिणें आपले हात आनीकय विस्तारल्यात. डमडम विमानतळालागीं जेसोट रस्त्यार 'निर्मल केनेडी गृह' आसा. १९७१ वर्सा बांगला देशांतले लोक पाकिस्तानांतले वेगळे सरूक झुजताले. त्या वेळार उदेंती बंगालांतले हजारांनी लोक पळून अस्तमते बंगालांत आयल्ले. तांचे खातीर आंब्यां - जांबळ्यांच्या आनी माडांच्या मळ्यांत पयले निर्वासीत केंद्र चालू केल्लें. आपले घर-दार आनी सगलें सोडून ते लोक जीव मुठींत धरून जळींमळीं धांवले. ते धांवपळींत जायते जाण आपापल्या कुटुंबातले दोशीं जाले. त्या भिरांकूळ हाल-उपद्र्यांक लागून अनेकांच्यो तकल्यो फिरल्यो.

भारतीय शिमे वाठारांत निर्वासितांच्या शिबिरांनी हात - बोट लावंक सगल्या पयल्यो कोण धांवल्यो जाल्यार मदर तेरेजा आनी तिच्यो भक्तिभावी सांगातिण्यो. त्यो जेवणखाण, वखदां आनी सगल्यांत चड मोलाचें म्हळ्यार आपली दयामाया घेवन आयल्यो. झूज सोंपतकच निर्वासीत आपल्या स्वतंत्र जाल्ल्या देसांत आनी घरदारा परतले. तेन्ना तें शिबीर मदर तेरेजाचे 'मिशनरीज ऑफ चॅरिटी' हे संस्थेक दिलें. हें योग्य जालें.

त्या वेळार मदर तेरेजाक जोसेफ केनेडी (ज्यु.) फौंडेशन हे संस्थेकडच्यान ५०,००० डॉलर मेळिल्ले. ते दुडू खर्चून तिणें मेंग्यां आनी मतिमंद पिडेस्तांखातीर ''निर्मल केनेडी होम'' ह्या घराची स्थापणी केली. विदेशांतले तरबेज भौतिकी चिकित्सक अणभवी मानसवैज आनी हेर तज्ञ

हांगासर थोडो काळ काम करूंक येतात. सिस्टरी तांचेकडेन उपचार करूंक शिकतात आनी ते वतकूच त्यो ते उपचार चालू दवरतात. थोड्या पिडेस्त भुरग्यांची दशा पळोवन काळीज दुखता, पूण त्यो सिस्टरी सदांच हांसत्या मुखामळान वागतात. ते सगले सुवातेर शांती आनी समाधान पसरलेलें आसता. असलेंच वातावरण मदर तेरेजाच्या सगल्या केंद्रांनी आसा.

जे केदींच बरे जावपाचे नात, जांचे विशीं कसलीच आशा धरूंक जायना तांचे खातीर कित्याक त्रास घेवप आनी दुडू मोडप काय म्हूण जायते जाण अजापून मदर तेरेजाक विचारतात. पूण असलो तर्क ती मानून घेना. ती म्हणटा : ''सगले जीव पवित्र. सगलीं देवाचीं भुरगीं. तांकां मोग दिवंक जाय आनी तांची जतनाय करूंक जाय.'' तांका थोडी भुजवण आनी इल्लोसो संतोष दिल्यार फुकट वचना म्हूण ती मानता.

राश्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ले एके अपांगूळ चलयेसांगाताक मदर तेरेजा

मोग आनी मान

मदर तेरेजाच्या कार्याचें म्हत्व वळखून तिका जायते पुरस्कार फावो केल्यात. मेळिल्ले दुडू मदर रोखडीच आनीक एक नवें घर बांदपाक वापरता. आपणाक दिल्ली मान्यताय म्हणजे गरीबांक आनी दुखेस्तांक संवसारांतल्या लोकाचे विवेकशक्तीक मागणी करपाचो हक मानून घेवप म्हूण ती समजता.

सगल्यां पयलीं भारत सकारान तिचो सन्मान केला. १९६२ वर्सा तिका पद्मश्री ही पदवी दिली. राष्ट्रपतीन तिच्या गळ्यांत एक बिल्लो घातलेलो तो आतां मातृघराच्या कपेलांत आशिल्ले आंकवार मरयेचे मूर्तीक नेटयता. त्याच वर्सा तिका मॅगसेसे पुरस्कार फावो जालो. उत्तम समाज सेवा करता ताका, ताची तुस्त करून हो आंतरराष्ट्रीय पुरस्कार दितात.

१९७१ वर्साच्या जानेरांत पापसायब सव्या पावलून तिका पापसायब तेविसावो जुआंव शांती पुरस्कार दिलो. त्याच वर्साच्या सेतेंब्रात ''ध गुड सॅमॅरिटन अवॉर्ड'' मेळ्ळो, आनी एका म्हयन्या उपरांत ''जॉन एफ. केनेडी आंतरराष्ट्रीय पुरस्कार'' तिका लाभलो.

फाटाफाट मदर तेरेजाक आनीकय पुरस्कार फावो जाले. १९७२ वर्सा भारत सरकारान तिका आंतरराष्ट्रीय समजिकायेचो ''जवाहरलाल नेहरू अवॉर्ड'' दिलो.

१९७३ वर्सा धर्मांतले प्रगती खातीर इंग्लंडाच्या फिलीप कुंवरान मदर तेरेजाक ''टेंपलटन अवॉर्ड'' भेटयलो. १९७४ वर्सा तिका अमेरिकेंतलो ''मातॅर ॲत माजीस्त्रा'' पुरस्कार दिलो.

आनी १९७९ वर्सा तिका सगल्यांत व्हडलो पुरस्कार - नोबेल शांती पुरस्कार अर्पिलो.

भारतरत्न स्विकारताना मदर तेरेजा

१९८० वर्सा भारत सरकारान भारतरत्न हो सगल्यांत वर्तो भोवमान तिका फावो केलो.

उपासमार पयस करूंक झट्टात तांकां एकवटीत राष्ट्रांची एफ. ए. ओ. हो विभाग सेरेस पदक दिता. पूण तिका होय मान मेळ्ळो तो अप्रूप आनी सदांकाल उगडास उरपा सारको. त्या पदकाचे एक वाटेन, वेंगेंत धेवपी दोन हातांमदें भुकेन वळवळतल्या भुरग्याची प्रतिमा, आनी दुसरे वाटेन मदर तेरेजाचो रूपकार कोरांतलेलो आसा.

सगलो संवसार वेंगेंत

कलकत्त्याचे एके किरकोळ झोपडपट्टेंत मदर तेरेजान जो वावर सुरू केल्लो तो आयज संवसारभर पसरला.

प्रत्येक खंडांत, दर एका देसांत दळदिरे आसातच. आनी जंय ते आसात थंय निळे देगेची साडी घाल्ली माद्र आसताच! रोमांत वैभवी वातिकाना लागीं झोंपडपट्टेंत वो पासिफीक जुव्यांतल्या पापुआ न्युगिनी ह्या पयसुल्या वाठारांत लेगून मदर तेरेजांच्यो सिस्टरी सेवाकार्य करतल्यो. तुमकां दिश्टी पडटल्यो.

कुडीन आनी मनान पिडेस्त जाल्ल्यांभितर, वो एकसुरपणांत जियेतल्या मदें वो झुजाक लागून - जें झूज तांणी करूंक ना - कश्ट - दुख भोगतल्या सरशीं त्यो माद्री वावरतात.

एके व्हड विमान कंपनीच्या कार्यालयांत मेळटा तसलो नकाशो मदरच्या मुखेल घरांत लायिल्लो तुमकां दिश्टी पडटलो. कलकत्त्याच्या केंद्रांत थावन संवसाराच्या दर एका देसांत फांटे विस्तारून गेल्यात. येवरोप आनी आफ्रिका, आशिया आनी ऑस्ट्रेलिया, उत्तर आनी दक्षीण अमेरिका ह्या खंडांतल्या जायत्या देसांनी मदर तेरेजाचीं केंद्रां आसात. संवसाराच्या खंयच्याय कोनशार दुख, त्रास आसात म्हूण कळना फुडें मदर थंय मोगाचो आनी सेवेचो संदेश घेवन धांवून वता आनी कश्टवतल्यांक आधार दिवंक लागता. हाका लागून मदरची संस्था आपलें कार्य करीत आशिल्ल्या देसांची वळेरी करता ती दर पावटी पोरनी जायत वता.

सकल नोव. १९८७ चो आराखडो दिला. तो तितलो सारको ना, पूण लागसाराक आसा, कारण तात्कालिक मदत मागपाखातीर मुखेल घरांत ती धाकटुली घांट वाजोवन येतात त्या

गरजेवंतांचेर उपचार करूंक त्यो सेविका इतल्यो गुल्ल आसतात आनी ती आंकडेवारी वेळावेळार नीट करपाक तांकां वगत ना. संवसाराचे फाटीर ''मिशनरीज ऑफ चॅरिटी''चीं शेकड्यांनी केंद्रां आसात तांचीय परिस्थिती हीच. तांकांय वगतावगतार मुखेल घराक माहिती दिवंक वेळ ना. तांचें हें सेवाकार्य दयाळपणाचें आसून शांतपणान केल्ल्या बऱ्या कामाचो हिशोब त्यो सांभाळून दवरनात.

मिशनरीज ऑफ चॅरिटी	आंकडेवारी
१. सिस्टरींची संख्या	२२३३
२. झोंपडपट्टेंतल्यो शाळा	९७
३. भुरग्यांची संख्या	१३७७७
४. मदत केंद्रां	१९०
५. सातवड्याक सुकें भातें व्हरपी	८००५६
६. दिसानदीस जेवण घेवपी	४५५३३
७. शिवणेचे वर्ग	२०२
चलयो	७९३७
८. टंकेलेखन (टायपिंग) वर्ग	८
चलयो	२४३
९. फिरतीं उपचार केंद्रां	७४५
उपचार घेतलेले पिडेस्त	१५६९८२१
१०. कुश्टरोग केंद्रां	११९
उपचार घेतलेले पिडेस्त	१८२९४८
११. मरणा तणीर आशिल्ल्या दीनदुबळ्यांखातीर घरां	१४५
पिडेस्त	३९८१
१२. अनाथालयां	१०३
भुरगीं (सध्याची संख्या)	४२६०
१३. दिसाच्यो बाळधर्मसाळो वो अपपोसण केंद्रां	१०२
भुरग्यांची संख्या	१५२३४
१४. बेबद्यां आनी वखदां-वेसन्यांखातीर घरां	६
१५. अविवाहित आवयांखातीर घरा	९
आवयो	४५२
१६. निसर्गीक कुटुंब येवजण केंद्रां	२२
मार्गदर्शन घेतलेल्यो व्यक्ती	३९३२

खरे नमळायेची तुस्त

आपल्या वावरांविशीं आनी भोव करून आपलेविशीं उलवपाचें मदर तेरेजाक आवडना. आपणें जें कितें केलां तेसंबंधीं वो आपले संस्थे बाबतींत तिणें केन्नाच पुस्तकां वा लेख बरोवंक नात. तिणें जर वर्तमानपत्राचेर बरयल्यार चड लोकांक तिच्या कार्याची माहिती मेळूंक पावतली म्हूण एका पत्रकारान एक पावटी तिका सुचवणी केली. मदर तेरेजान हांसत्या मुखामळान ताका सांगलें : ''तें म्हजें काम न्हय; तें तर तुमचें काम !''

थोडें थोडें करून मदर तेरेजाचीं कामां आपशींच लोकीक जाल्यांत. जांणी तिका काम करताना पळेल्या वा जांची तिणें सेवा केल्या तेच तिचो तोंडी प्रचार करतात. मदर तेरेजा ही अशी एक व्यक्ती आसा की ती रित्या हातांनी आपणांक परत धाडचिना म्हूण गरजेवंतांक आनी पिडेस्तांक समजलां.

वर्तमानपत्रांनी आनी पत्रिकांनी तिचें अप्रूप कार्य संवसारा मुखार दवरलां, आनी तिचे सारको दुसरो आनीक कोणूच ना म्हूण संवसाराक पटलां. बरे दादले आनी बऱ्यो बायलो खूब आसात. देवाक सोदपाखातीर हजारांनी मनशांनी संवसाराचो त्याग केला. दुसऱ्यांक जियेवूंक मेळचें म्हूण जायत्यांनीं आपले प्राण सोडल्यात. पूण मदर तेरेजा ही एकीच. एके अस्कत बायलेच्या भावार्थाचेर स्थापलेली ती संस्था इतली विस्तारल्या की तिचे फांटे सुमार दर एका देशाच्या पिडेस्तां आनी दुखेस्तां फुड्यांत पावल्यात. आनी म्हत्वाची गजाल ही : संवसारांतले दीन - दुबळे आपल्या दारांत मदत मागूंक येतले म्हूण ती रावना, पूण ती तांकां सोदूंक भोंवत

आसता. इतली वेव्हारी गिन्यानाची आनी इतली दयाळ काळजाची दुसरी जाळवणदार व्यक्ती केन्नाच जावंक ना. जंय-जंय आपखुशेन सेवा करपाची गरज आसता थंय- थंय मदर तेरेजा आनी तिच्यो सिस्टरी पयल्यो हाजीर आसतात.

एक फावटी हातांत घेतलेलो प्रकल्प, मागीर तिचे मुखार कितलींय आडमेळीं आनी अडचणी येवूं, तिका कितलेंय त्रास भोगूंक पडूं, ती केन्नाच सोडून दिना. मोगाचे चिकाटेन ती वावरता देखून येस सदांच तिच्या वांट्याक येता. तिचे अध्यात्मीक गूण वेव्हारवादाचो आकार घेतात ही तिची खेरीत विशेशताय. ही बायल - मनीस चड उलयना, पूण तिच्यो करण्योच तिचेविशीं जायतें सांगतात.

ल्हान - सान घडणुकांतल्यान मदर तेरेजाक आनी तिचे सिस्टरींक कितलो मान आसा आनी लोक तांकां कितलो तोखेता तें कळटा. ''निर्मल केनेडी होम'' निर्वासितांचें शिबीर आसलें तेन्ना थंय शिरशिरेची साथ आयिल्ली. त्या वेळार निर्वासितांची चौकशी करपाखातीर त्या शिबिराक भेट दिवंक सिनेटर केनेडी आयिल्लो.

त्या निरभाग्यांक आनी पिडेस्तांक पळेत तो चलतालो तेन्ना निळे देगेची साडी न्हेसून आशिल्ले एके अस्तरेचेर ताची नदर थिरावली. ती एका नळा सकल ओणव घालून उमळटाली. मदरचे संस्थेंतली ती एक सिस्टर आसली आनी शिरशिरेच्या पिडेस्तांचे म्हेळे कपडे ती धुताली.

सिनेटर केनेडीक तिचे चुरचुरे दिसले. तो ते सिस्टरी लागीं गेलो आनी आपलो हात ताणें फुडें केलो. पूण ताका हात दिवंक ती फाटीं सरली. तिचे हात म्हेळे जाल्ले. सिनेटरान तिका म्हणलें : ''तुजो हात जितलो चड म्हेळो आसत तितलो म्हजो सन्मान चड म्हूण हांव समजतां.''

मोग म्हणजेच देव

लाख पावटी पूण लोकांनी मदर तेरेजाक एक प्रस्न विचारला : ''हें म्हान काम करपाक तुका प्रेरणा कोण दिता ?'' आनी ती फाटीं - फुडें जायनासतना जबाब दिता : ''जेजू क्रिस्त.''

''पूण हें सगलें करपाक तुका खंयच्यान बळ येता ?'' अशें लोक तिका विचारतात तेन्ना तिची सडसडीत जाप आसता : ''बायबल.''

जेजू क्रिस्त आनी पवित्र ग्रंथ (बायबल) हे मदरचे मार्गदर्शक दिवे आसत, पूण तिची तुस्त करपी आनी तिच्या हातगुणाचो लाव घेवपी सगल्या धर्मांचे आसात. वेगवेगळे जातीं - धर्मांचे आनी राश्ट्रांचे दादले आनी बायलो तिच्या फुड्यांत येतात. पळोवंक ती सादी - भोळी दिसता खरी, पूण तिच्या आंगांतल्यान आत्मीक तेज लकलकता आनी जो कोण तिचे लागीं येता तो टिपावन वता. तिची हीच प्रार्थना आसता : ''देवा, ह्या जगांत, जे आमचे सांगाती मनीस दळदिरांत आनी उपासमारांत जियेतात आनी मरतात तांची सेवा करूंक तूं आमकां लायक कर.''

आपूण आपलो देस सोडून हांगा कित्याक आयलो आनी मदर तेरेजा बराबर काम करूंक कित्याक पसंद केलें तें एका परदेशी आपवावुरप्यान सांगलें. ''अस्तमतेच्या भव्य संस्थानी एक गूण जो मेळना तो हांगा भरपूर मेळटा. हो गूण म्हळ्यार मोगाचो गूण. मदर वो तिची कोणूय एकली सिस्टर कुडांत भितर सरनाफुडें ल्हान - व्हड पिडेस्तांचीं मुखामळां संतोसान फुलतात. मदर दर एके खाटीकडेन थांबता, कोणाक मोगान थापटिता, कोणाचे पिसडलेले केंस सारके

क़रता आनी सगल्यांकडेन आनंदान उलयता. ते तिका फकत उपकारी नांत, ती एक सांतीण म्हूण फकत तिचो आदर-सत्कार करीनात, पूण ती आपली आवय जाल्ले परीं ते तिचो मोग करतात.'' - ताणें सवकासायेन फुडें सांगलें.

मदरच्या घरांत कोण मोग आनी आनंद भरपूर आसा, पूण चैनीच्यो वस्तू मात त्या घरांत, सामक्यो थोड्यो, गरजे पुरत्योच दिश्टी पडटात. ''सिस्टर्स ऑफ चॅरिटी'' संस्थेच्यो सिस्टरी पुराय दुरबळकायेंत जियेवपाचें आपलें व्रत खरायेन पाळटात. त्यो सामक्यो सादेपणांत जियेतात आनी जें काम करतात तें देवाक भेटयतात. त्यो काळीज वोतून आनी उदार मनान आपली काळजी घेतात म्हूण दर एका पिडेस्ताक दुभावाविणें खात्री आसा. सकयले घडणुकें वेल्यान तांच्या कार्याचें स्वरूप दिसून येता :

मदर तेरेजाचे संस्थेंतली एक सिस्टर वैजकी परिक्षेत पासूच जावंक ना पूण ती विद्यापीठांत सगल्यां पयली आयली आनी तिका भांगरा बिल्लो फावो जालो. तिणें तो बिल्लो मदर तेरेजाक हाडून दाखयलो. मदर तेरेजाक व्हडली खोस भोगली, पूण तिणे तिका सांगलें, ''तूं गरीबांमदें काम करपाची आसा. तुका त्या भांगरा बिल्ल्याची गरज ना. मागीर तुवें तो दुसऱ्या क्रमांच्या विद्यार्थ्यांक फावो केल्यार कशें ?'' मात पूण फाटीं - फुडें जायनासताना ते तरणाटे सिस्टरीन तो बिल्लो परत दिलो. एका वैजाक तो बिल्लो समरपिल्लो. ताणें तो आपल्या कुडांत लांबोवन दवरला. ताका त्या बिल्ल्यापरस मदर तेरेजा आनी तांच्या निस्वार्थी सिस्टरींकडेन आपलो सांगात आसा हाचो अदीक अभिमान दिसता !

मनशाकुळाक दान

मदर तेरेजाची देवाचेर थीर श्रध्दा आसा. हीच देवाची एक देणगी तिका. देवाचेर आपलो विस्वास आसा आनी देवान आपली बेपर्वा केन्नाच केल्ली ना म्हूण ती परत परत सांगता आनी कांय घडणुकांचो उगडास करता.

एक पावटी संत जुजेची परब करपाक एक पाद्री दुडू जमयतालो. मदर तेरेजान आपलें पत्र्याचें पेटूल उगतें केलें. तांतूंत एकूच रुपया आसलो. एका रुपया शिवाय आनीक चड कितेंय आपल्याकडे दिवंक जायना देखून तिका खूब वायट दिसलें. तिणें संत जुजेची एक ल्हान प्रतिमा त्या पेटलांत दवरली आनी दिवपा पुरते दुडू जमल्या उतरांतच ती प्रतिमा भायर काडटली म्हूण तिणें सांगलें.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं एके सिस्टरीन मदर तेरेजाकडे एक कोरो थवो लाखोटो दिलो. तो तिका दिवंक म्हूण कोणें दवरलेलो. तातूंत शंबर रुपयांचें एक नोट आसलें. मदर सामकी खुशाल जाली. ती हांसमुख जावन उद्गारली : ''पळयात, एक रुपया शंबर पटींनी वाडून आयलो. आतां संत जुजे पेटलांतलो भायर सरूंक शकता.''

सुरवातेक अर्थीक परिस्थिती बरी नासली देखून मदर तेरेजाक जायतें भोंवचें पडलें. आतां दुडू लोटून येता. तरीय आसताना ती आनी तिच्यो सिस्टरी जीं कामां करूंक सोदतात तीं कामां तडीक पावोवंक मेळटा तितलो दुडू थोडोच म्हळ्यार जाता. फकत दुर्बळकायेक लागून मनीस दुखी आनी लाचार जायना. भारतासारक्या गरीब देसांत जी व्हडली दळदीर आसा ते विशीं ती

म्हणटा : ''जेवणा-खाणा बाबतींत आमी दुर्बळ आसत, पूण अस्तमतेच्या राश्ट्रांनी जें दुर्बळपण आसा तें सामकें पाश्ट. ते म्हळ्यार एकसुरपणाचें दुर्बळपण.'' एके मुलाखती वेळार तिणें सांगलें, ''आयज लोक मोगा खातीर भुकेल्लो आसा. देखूनच आमी इंग्लंड, अमेरिका आनी ऑस्ट्रेलिया सारकेल्या देसांनी वचूंक शकतात. थंय जेवणा-खाणाचो दुकळ ना. पूण थंय लोक भिरांकूळ एकसुरपण भोगता आनी भारी निराशेंत जियेता. आपूण निराधारी, लाचार आनी कोणाकूच नाकात तसले जाल्यात म्हूण थंयचे मनीस हुस्को करतात. हांसपाचें, मुरगटपाचें तें विसरून गेल्यात; मानवी स्पर्शाचे नाजुकायेचो तांकां उगडास जायना. तांकां समजपी आनी तांचो आदर करपी मनशाची तांकां गरज आसा.''

१९३५ वर्सा मदर तेरेजान भारता भायर आपले संस्थेचो फांटो चालू केलो. संवसाराच्या विंगड विंगड भागांनी तिणें अनाथालयां, विद्यालयां आनी हॉस्पिटलां हांचें एक जाळ विणलां. गरीबांखातीर तिणें धर्मशाळा उब्यो केल्यात आनी मरूंक पावलेल्या पिडेस्तां पासत घरां बांदल्यांत. कुश्टरोगी, मतिमंद, आंगविकळ आनी बरे जावंक नजो आशिल्ल्या पिडेस्तांखातीर तिणें धर्मशाळा चालू केल्यात. ग्वाटेमालांत भूंयकांप जालो तेन्ना घरदार घट्टण जावन उबंत पडलेल्यांक आधार दिवंक मदर तेरेजान एक केंद्र स्थापलें. ऑस्ट्रेलियांत बेबद्यांक आनी वखदां-वेसन्यांक सुधारपाचें काम ''सिस्टर्स ऑफ चॅरिटी'' संस्थेच्यो माद्री करतात. १९७३ वर्सा पालेस्तिनांतल्या लाखांनी निर्वासितांचो सांभाळ करूंक सिस्टरी गाजा पट्टेंत पेणें करून रावल्यो. बेयरुटांत सगल्या वाटांनी नाळीं - तुबकांचे फारार फार जाताना रस्त्यांचेर हिंडटल्या भुरग्यांक मदर तेरेजान वांचयलीं. तिचें कार्य अशें चलत आसा. खंयच्यानूच आधार - आलाशिरो मागून बोब आयकली म्हणटच तांच्या उल्याक ती ओ दिवन आपल्या सेविकांक पाठयता. थंय त्यो गरजेच्यो वस्तू मागून हाडटात आनी मदत दिवपाचें काम चालू करतात.

ह्या संवसारांत म्हासागरा इतली दया जाय पडटा तेन्ना आपलो वावर म्हणजे फकत एक थेंबो म्हूण जायते पावटी मदर तेरेजा सांगता. ''जर हांव तांतूंत एक थेंबो घालीना तर म्हासागरांत एक थेंबो कमी आसतलो.'' - अशेंय ती म्हणटा.

मदर तेरेजा एक जिवंत सांतीण म्हणून लोक तिका मान दिता. दुखेस्तांचे आनी पिडेस्तांचे नदरेंत ती खरेपणीं एक मसिया - भलायकी दिवपी. हेंच बिरूद तिका प्रेरणा दिवपी जेजू क्रिस्ताक दिल्लें. क्रिस्ताच्या पावलाचेर पावल घालून, एक सादी, चालती व्यक्ती मनशाकुळाचो भरवंसो कसो जावंक पावता हें तिणें दाखोवन दिलां.

Printed at Modern Printers, Delhi-110 032

रु. 7.50

नेशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया